## एसटी विद्यार्थ्यां खातीर प्री-मेट्रीक/ पोस्ट-मेट्रीक शिश्यवृत्ती येवजण

ता. 12 सप्टेंबर 2024

आदिवासी कल्याण खात्यावतीन "अनुसूचीत जमाती विद्यार्थ्यीं प्री-मेट्रीक (इयत्ता IX आनी X) आनी पोस्ट-मेट्रीक शिश्यवृत्ती" ह्या केंद्र पुरस्कृत येवजणेची अंमलबजावणी करपात येता. हे येवजणेखातीर अर्ज करपा खातीर नॅशनल स्कॉलरशिप पोर्टल ( https://scholarships.gov.in ) चेर ऑनलाइन अर्ज मागोवपात येता.

2024-25 शालेय वर्साच्या प्री-मेट्रीक आनी पोस्ट-मेट्रीक शिश्यवृत्ती येवजणे खातीर अर्ज करपाक 22 जुलय 2024 सावन पोर्टल उकतो जाला आनी अर्ज सुपुर्द करपाची निमाणी तारीख 31 डिसेंबर 2024 आसा. ह्या तारखांक अनुसरून INO पांवड्यावयल्या पडताळणीची निमाणी तारीख 15 जानेवारी 2025 आनी जिल्हा पांवड्यावयल्या पडताळणीची निमाणी तारीख 31 जानेवारी 2025 आसा.

केंद्रीय आदिवासी वेव्हार मंत्रालयान सगळ्या अर्जदारांखातीर आधारकार्ड नंबर सक्तीचें करपाचो निर्णय घेतला. पुण आधाराबगर अर्ज करपी अल्पवयीन अर्जदारांखातीर पालक वा कायदेशीर पालकांनी आधार दिवप सक्तीचें आसतले.

2024-25 वर्सा सावन आधार आदारीत बायो-मेट्रिक प्रमाणीकरण आनी eKYC सक्तीचें आसतले. पुण प्रक्रीया सोपी करपाखातीर 2023-24 वर्सा खातीर वन-टाइम पासवर्ड (OTP) आदारीत प्रमाणीकरणाक लेगीत परवानगी दितले. जाईल. नॅशनल स्कॉलरशिप पोर्टलाचेर नोंदणी करपाखातीर विद्यार्थ्यांनी आपलो वापरात आशिल्लो मोबायल नंबर आपल्या आधारकार्ड नंबराक लिंक केल्लो आसपाक जाय. संस्थांच्या नोडल अधिकाऱ्यांनी प्रमाणीकरण आनी eKYC प्रक्रीया पुर्ण करपाक जाय.

ज्या विद्यार्थ्यांक पयलीच OTR नंबर मेळ्ळा तांणी एनएसपी पोर्टलाचेर थेट शिश्यवृत्ती अर्ज करपाक जाता. जांकां SMS वरवीं OTR नंबर मेळूक ना तांणी पोर्टलाचेर "Know Your OTR" चो उपेग करून सोदपाक जाता. OTP आदारीत eKYC पुर्ण केल्ल्या विद्यार्थ्यांक संदर्भ क्रमाक दितात. OTR नंबर जनरेट करपा खातीर **(link:https://play.google.com/store/apps/details?id=in.gov.uidai.facerd), https://play.google.com/store/apps/details?id=in.gov.scholarships.nspotr&pli=1)** भेट दिवची.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/479

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.